आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरो

22.10.2025 7.20 pm

मुखेल खबरो

- राज्यातल्या water sportsचे बेकायदेशीर तिकीट आनी प्रचाराचेर आळाबंदा हाडपा खातीर पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी ह्या फुडे खर कारवाय जातली अशी शिटकावणी दील्या.
- पर्यटनमंत्री आनी पर्वरीचे आमदार रोहन खंवटे हांणी आयज सकाळीं अधिकाऱ्यां सयत पर्वरे- म्हापशें मार्गार elevated कॉरीडॉरच्या कामाची पळोवणी केली
- गोंय बार्ज मालक संघटनेचे वांगड्यानी आयज sarvjanik bandkaam मंत्री दिगंबर कामत हांची पर्वरे मंत्रालयात भेट घेंवन ह्या क्षेत्राचेर परिणाम करपी बऱ्याच काळासावन प्रलंबीत आशिल्ल्या प्रस्नांचेर चर्चा केली.
- खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालय एकोणसत्तराव्या राष्ट्रीय शालेय खेळां वस्तादर्ण 2025 तायक्वोंडो खातीर 14 वर्सासकयल्या चलीयांखातीर आनी 19 वर्सा सकयल्या चलीयांखातीर निवड चांचण्यो आयोजित करतले .

<u>Khaunte rashmi 60</u>

राज्यातल्या water sportsचे बेकायदेशीर तिकीट आनी प्रचाराचेर आळाबंदा हाडपा खातीर पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी ह्या फुडे खर कारवाय जातली अशी शिटकावणी दील्या. कळंगुटचे आमदार मायकल लोबो आनी साळगांवचे आमदार केदार नायक तशेंच पर्यटन खात्यातल्या अधिकाऱ्यांकडेन आयज बसका घेतली. water sports मळार पारदर्शकता सुनिश्चीत करपाक आनी पर्यटक-अणभव सुदारपाक एक/सारके दर- बोर्ड आनी समर्पीत kiosk सुरू करतले अशी म्हायती मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या. Byte

<u>Porvorim 85 ganesh</u>

पर्वरे- म्हापशें मार्गार elevated कॉरीडॉरच्या फुडल्या टप्प्यांतल्या कामा खातीर आतां येरादारींत व्हड बदल करचे पडटले. पर्यटनमंत्री आनी पर्वरीचे आमदार रोहन खंवटे हांणी आयज सकाळीं अधिकाऱ्यां सयत कामाची पळोवणी केली. ह्या वेळार म्हापशेंचे आमदार जोशुआ डिसोझा हाजीर आशिल्ले. पर्वरी महिंद्रा शोरूमा मुखार सुरू आशिल्ल्या कामाची तांणी पळोवणी केली. उत्तर गोंयचे जिल्लोधिकारी अंकीत यादव आनी पुलीस अधिकाऱ्यांक तांणी म्हत्वाच्यो सुचवण्यो केल्यो.

elevated कॉरीडॉराच्या कामाक लागून म्हापशें- पणजी मार्गावेल्या प्रवासाक सध्या वरा परस चड वेळ लागता. हो वेळ कसो उणो करपाक मेळटलो? हाचेर विचार करून ते प्रमाण येरादारी वेवस्थेंत बदल करतले, अशी म्हायती अधिकाऱ्यांनी दिली.

Pm shah 50

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी आज गृहमंत्री अमित शहा हांका त्यांच्या वाढदिवसा निमित्त शुभेच्छा दिल्या. सोशल मीडिया पोस्टात मोदीनी म्हणले की, भौशिक सेवेतले समर्पण आणि कष्टाळू स्वभावाबद्दल शहाचे सगळीकडे कौतुक जाता. भारताच्या अंतर्गत सुरक्षा यंत्रणेक बळकटी दिवपाक आणि प्रत्येक भारतीयाक सुरक्षित आणि सन्मानाची जीण जगपाक मेळची म्हण गृहमंत्र्यांनी प्रशंसनीय प्रयत्न केल्यात. मोदींनी शहाच्या दीर्घ आणि निरोगी आयुष्याखातीर प्रार्थना केली.

सुभाष 70

पांचवेंत शिकपी अनुसुचीत जमातीच्या विद्यार्थ्यां खातीर पूर्व-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती येवजणे खाला मुख्यमंत्री शिश्यवृत्ती पोर्टलाचेर अर्ज सादर करपाची वेळ आदिवासी कल्याण संचालनालयान वाडयल्या. आता अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक ३० नोव्हेंबर २०२५ अशी आसा. NIO पातळेचेर सत्या/पनाची निमाणी तारीक १५ डिसेंबर २०२५ दिसा जाल्यार जिल्लो पातळेचेर सत्यापना खातीर निमाणी तारीक ३१ डिसेंबर २०२५ आसा. सरकारी आनी अनुदानीत माध्यमिक शाळांच्या मुखेल्यांनी हाची नोंद घेवंची आनी विद्यार्थ्यांक तशी म्हायती पावोवंची अशें आवाहन शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी केलां.

DIP 110

खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयान 2023_24 आनी 2024_25 वर्साच्या राज्य युवा पुरस्कारा खातीर अर्ज करपाची मुजत 31 ऑक्टोबर मेरेन वाडयल्या. युवा विकासाच्या क्षेत्रात प्रशसनीय सेवा करपी सक्रिय आणि क्रियाशील व्यक्ती आणि स्वयंसेवी संघटना, महाविद्यालय, युवा क्लब आणि निम सरकारी संघटनांकडच्यान अर्ज मागयल्यात. 15 ते 29 वर्सां पिरायेचे तरणाटे वैयक्तीक पुरस्कारा खातीर अर्ज करपाक पात्र आसात. अर्ज, पात्रताय नेम आनी अटी आनी हेर म्हायती खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयाच्या संकेतथळार www.dsya.goa.gov.in अपलोड केल्या. पात्र तरणाट्यांनी, एनजीओ आनी हेरांनी, वेवस्थीत भरलेले अर्ज दिल्ले प्रमाणपत्र आनी सेवा प्रशस्तीपत्रां सयत खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय, कंपाल पणजी कडेन 31 ऑक्टोबर 2025 मेरेन सादर करचे.अधिक म्हायती खातीर APEO पांडुरंग नायक, वा सिंथिया सीक्वेरा ह्यांचे कडे संपर्क करचो

Barge Rashmi 80

गोंय बार्ज मालक संघटनेचे वांगड्यानी आयज sarvjanik bandkaam मंत्री दिगंबर कामत हांची पर्वरे मंत्रालयात भेट घेंवन ह्या क्षेत्राचेर परिणाम करपी बऱ्याच काळासावन प्रलंबीत आशिल्ल्या प्रस्नांचेर चर्चा केली. 2012 वर्सा सावन बार्ज उद्देगाक शेगीत लुकसाण जावपाक लागलां अशें संघटणेन सांगलां आनी वर्सुकी उण्यांत उणें 2 कोटी टन धातुक आनी हेर खनिजां हाताळपाची खात्री करची, जाका लागून कामां परतून सुरू करपाक आनी तिगोवन दवरपाक मदत जातली अशी मागणी ह्या संघटनेन केला. संघर्श करपी उद्देगाक परतून उर्बा दिवपा खातीर बार्ज मालकांक सरकारी आदार दीवची अशे संघटनेच्या जाळवणदारांनी म्हणला.

पेरणी 60

कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर ह्यांच्या हसतुकी २७ ऑक्टोबर २०२५ दिस सांजे साडे चार वरांचेर संस्कृती भवन, पाटो, पणजी हांगा डॉ. पांडुरंग फळदेसाई ह्यांनी बरयलल्या "पेरणी झागोर" या पुस्तकाचे प्रकाशन जातले. राज्यांतली गिरेस्त सांस्कृतीक परंपरा तिगोवन दवरपाखातीर आनी ताका चालना दिवपाखातीर कला आनी संस्कृती खातें वेगवेगळीं येवजण्यो चालीक लायता. दर वर्सा थळावी परंपरा आनी संस्कृताय ह्या विशयाचेर थळाव्या लेखकांनी बरयलली पुस्तका खात्या कडल्यान एक पुस्तक उजवाडाक येता.

DIP 50

गोंय विद्यापीठान ICSSR, नवी दिल्लीच्या निधी वरवी सोलफुल जर्नीस : इंटीग्रेटिंग थेरपीटीक इंडिजनस क्युझिन्स वेलनेस प्रोग्राम्स अँड फिलॉसॉफिकल काउन्सलिंग फॉर सस्टेनेबल अँड होलिस्टिक टूरिझम इन गोवा हिंटरलँड ह्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपा खातीर मुखेल संशोधन प्रकल्प येवजणे खाला संशोधन सहाय्यक आनी क्षेत्र तपासक पदाचेर अर्ज मागयल्या. इत्सूक उमेदवारांनी चड म्हायती खातीर संकेतथळाक भेट दिवची

वेदर 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 34 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता .वारे वराक 35 ते 45 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 55 किलोमीटर इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला

Sports 100 dip

खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालय कॅम्पल, पणजी 69व्या राष्ट्रीय शालेय खेळां वस्तादर्ण 2025 खातीर गोंय राज्य पंगडांचे प्रतिनिधीत्व करपा खातीर तायक्कोंडो 14 वर्सासकयल्या चलयांखातीर आनी 19 वर्सा सकयल्या चलीयांखातीर निवड चांचण्यो आयोजित करतले .

23 ऑक्टोबर 2025 दिसा 14 वर्सासकयल्या चलीयांखातीर सकाळीं 9.30 ते 10.30 वरां मेरेन पणजेच्या कॅम्पल हांगाच्या इंडोर हॉलांत आनी 24 ऑक्टोबर 2025 दिसा 19 वर्सा सकयल्या चलीयांखातीर निवड चांचण्यो जातल्यो. १४ वर्सा सकयल्या चलियाखातीर पात्रता अशी आसा की खेळाडूंचो जन्म ०१ जानेवारी २०१२ किंवा त्याउपरांत जाल्लो आसपाक जाय आणि १९ वर्सा सकयल्या चाळियांच्या विभागात खेळाडूंचो जल्म ०१ जानेवारी २००७ किंवा त्या उपरांत जाल्लो आसूंक जाय. वेंचून काडिल्ल्या खेळगड्यांक पात्रताय फॉर्मा वांगडा दोतोरा कडल्यान पिराय सत्यापन चांचणी प्रमाणपत्र सादर करचें पडटलें.

मुखे खबरो

- राज्यातल्या water sportsचे बेकायदेशीर तिकीट आनी प्रचाराचेर आळाबंदा हाडपा खातीर पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी ह्या फुडे खर कारवाय जातली अशी शिटकावणी दील्या.
- पर्यटनमंत्री आनी पर्वरीचे आमदार रोहन खंवटे हांणी आयज सकाळीं अधिकाऱ्यां सयत पर्वरे- म्हापशें मार्गार elevated कॉरीडॉरच्या कामाची पळोवणी केली
- गोंय बार्ज मालक संघटनेचे वांगड्यानी आयज sarvjanik bandkaam मंत्री दिगंबर कामत हांची पर्वरे मंत्रालयात भेट घेंवन ह्या क्षेत्राचेर परिणाम करपी बऱ्याच काळासावन प्रलंबीत आशिल्ल्या प्रस्नांचेर चर्चा केली.
- खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालय एकोणसत्तराव्या राष्ट्रीय शालेय खेळां वस्तादर्ण 2025 तायक्कोंडो खातीर 14 वर्सासकयल्या चलीयांखातीर आनी 19 वर्सा सकयल्या चलीयांखातीर निवड चांचण्यो आयोजित करतले .